## NATIONAL NEWS 03.02.2026 @ 6.30 PM

### एनडीए

संसद भवन संकुलात जाल्या एनडीए संसदीय पक्षाच्या बसकेत आज एनडीए खासदारांनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींचो भारत-अमेरिका व्यापार कबलातीबद्दल सत्कार केलो. बसके उपरांत पत्रकारांकडे उलयताना संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणाले की, अमेरिके वांगडची व्यापार कबलात इतिहासिक आसा आणि भारत-ईयू मुक्त व्यापार कबलातीचेर सय जाल्या अरांत फकन एका सप्तकातच ही कबलात जाल्या.प्रधानमंत्री मोदींच्या फुडारपणाखाला सगळ विकसित देश भारता वांगडा समन्वयान काम करू इत्सीतात. रिजिजू यांनी माहिती दिली की आता मेरेन ३९ देशां वांगडा मुक्त व्यापार कबलाती जाल्यात . (बाइट - रिजिजू) एनडीए संसदीय पक्षाच्या बसकेत नवनिर्वाचित भाजप राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांचोय भौमान केलो.

### टॅरिफ

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी हाचेआदी घोषणा केल्ली की मेड इन इंडिया उत्पादनांर आता १८ टक्के कमी यूएस टॅरिफ आसतलो. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प कडे उलयल्या उपरांत त्यांनी सोशल मीडिया पोस्टत ही घोषणा केली. आपले प्रिय इश्ट राष्ट्राध्यक ट्रम्प कडे उलोवप खुप बरे आशिल्ले आणि जेन्ना दोन व्हड अर्थव्यवस्था आणि जगातली सगळात व्हड लोकशाय एकठांय काम करतात तेन्ना त्याचो लोकांक फायदो जाता आणि परस्पर फायदेशीर सहकार्याक प्रचंड संधी उपलब्ध जातात.

### सिन्हा

नागरी विमान येरादारी मंत्रालयान २०२६-२७ च्या केंद्रीय अर्थसंकल्पाचे स्वागत केला आणि देशाच्या विमान येरादारी क्षेत्राक आत्मनिर्भर करपाक तेको दिला अशे म्हणला.

विमान आणि भारतीय घटकांवेली मूलभूत सीमाशुल्क सूट देशांतर्गत विमान उत्पादनाक लक्षणीयरीत्या चालना दितली अशे मंत्रालयान म्हणला. आकाशवाणी खबरा विभागाकडे उलयताना, नागरी विमान येरादारी मंत्रालयाचे सचिव समीर सिन्हा हांणी म्हणाले की देखभाल, दुरुस्ती आणि दुरुस्ती उपकरणांच्या भागां वेली कस्टम शुल्क सूट २०२८ मेरेन वाढ यल्यान भारत जागतिक विमान देखभाल केंद्र म्हणून मजबूत जातलो. Byte समीर सिन्हा

पासवान

अन्न प्रक्रिया उद्योग मंत्री चिराग पासवान यांनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाचे कौतुक केले . कितलेशाच देशावांगडा मुक्त व्यापार कबलात केल्याबद्दल त्यांनी त्यांचे कौतुक केले. संसदेभायर पत्रकारांकडे उलयताना पासवान हांणी म्हणले की, युरोपियन युनियन आणि अमेरिके वांगडच्या कबलातीन जागतिक स्तरार भारताची प्रतिष्ठा वाड्यल्या. एनडीए संसदीय पक्षाच्या बसकेत प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी खासदारांक माहिती दिली की, अमेरिके वांगडा भारताची इतिहासिक व्यापार कबलात ही सततच्या संयमाचो परिणाम आसा

परीक्षा पे चर्चा’

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नागरिकांक ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक ‘परीक्षा पे चर्चा’ हो खाशेलो भाग पळोवपाचो उलो मारला. सोशल मिडियाचेर दिल्ले पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान भारतांतल्या तरणाट्यां कडे संवाद सादप हो एक प्रेरणादायी अणभव अशें सांगलां. ताण मुक्त परिक्षांचें म्हत्व तांणी सांगलें आनी आव्हानां पयस करप, समतोल दवरप आनी आत्मविस्वास वाडोवप हांचे विशीं वेव्हारीक अंतर्दृष्टी सांगली. अंदूं दिल्लींतल्या देवमोगरा, कोयंबटूर, रायपूर, गुवाहाटी आनी 7, लोक कल्याण मार्ग

हांगा ‘परीक्षा वॉरियर्स’ कडे संवादात्मक सत्रां आयोजीत केल्लीं अशी म्हायती मोदी हांणी दिली.

## जी रॅम जी

विकसित भारत-रोजगार आणि अजीविका मिशन (ग्रामीण) हमी कायदो, २०२५ हो बायलांक आधार दिवपाक कितलेशेच बायला-केंद्रित तरतुदींसयत समावेशक आणि सक्षमीकरणा खातीर डिझाइन केला अशे सरकारन म्हणला. लोकसभेत एका प्रश्नाच्या लेखी जापेत, कृषी राज्यमंत्री कमलेश पासवान हाणी म्हणले की, नवीन कायद्‌याअंतर्गत बायलांचो किमान एक तृतीयांश सहभाग अनिवार्य आसा. ज्या सुवातांनी पाच वर्षां सकयल वा त्यापरस अधिक भुरगी काम कऱपी बायला वांगडा आसता अशा सुवातांनी पाळणाघराची सुविधा उपलब्ध करून दितले अशे मंत्री उलयले.

## स्पोर्ट्स

फुटबॉलांत काल तुर्कस्तानांतल्या आंताल्या हांगाच्या एस अँड बी स्पोर्ट फुटबॉल संकुलांत जाल्ल्या इश्टागत मॅचींत भारतीय वरिश्ठ बायलां पंगडान जर्मन पंगड हर्था बीएससी फ्राउएनचेर 1-0 अशे  जैत मेळयलें. 37 व्या मिणटार ग्रेस डांगमेईन निर्णायक गोल करून ब्लू टायग्रेसेस पंगडान जैत मेळयलें. एएफसी बायलांचें आशियाई कप ऑस्ट्रेलिया 2026 सर्तीचे तयारेचो एक भाग म्हूण भारतीय पंगड आंताल्या आसा.

## वेदर

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब आनी उत्तर प्रदेशात दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. फुडले दोन दीस हिमाचल प्रदेश,

**उत्तराखंड, मध्य प्रदेश, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगाय अशीच परिस्थिती उरपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायल्या.**